**<u>24 ऑक्टोबराक संयुक्त राष्ट्र दीस</u>**

ता. 20 ऑक्टोबर 2022

राज्यांत 24 ऑक्टोबर 2022 दिसा संयुक्त राष्ट्र दीस मनोवपात येतलो. ह्या दिसा राज्याची राजधानी आनी जिल्हा मुख्यालयातल्या ज्या इमारतींचेर नेमान राष्ट्रीय बावटो हुबयतात त्या सगळयां इमारतींचेर राष्ट्रीय बावट्या वांगडा संयुक्त राष्ट्राचोय बावटो हुबोवपात येतलो.

पणजी आनी जिल्हा मुख्यालयातली जी सरकारी खातीं, कार्यालयां, भौशीक क्षेत्रातली आस्थापनां नियमीतपणान राष्ट्रीय बावटो हुबयतात तांणी ता. 24 ऑक्टोबर 2022 दिसा राष्ट्रीय बावट्या वांगडा संयुक्त राष्ट्राचोय बावटो हुबोवचो असो आदेश दिला.

पुण संयुक्त राष्ट्राचो बावटो राजभवन इमारत वा राजनिवास, विधीमंडळ इमारत, विधानसभा आनी उच्च न्यायालय इमारतीचेर हुबोवपात येवचो ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/645

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji